# <u>गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश</u>

ता. 17 जून 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “18 जूनाच्या गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या सगळ्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

गोंय क्रांती दीस हो गोंयच्या इतिहासातलो एक म्हत्वाचो दीस आसा आनी पोर्तुगीजांच्या सत्तेतल्यान आपल्या मायभुंयेक मुक्त करपा खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ले हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करपाक दर वर्सा आमी 18 जूनाक हो दीस मनयतात.

18 जून 1946 दिसाची मडगांव शारांतली सांज गोंय स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासातलो विसरूंक शकना असो दीस आसा. ह्याच दिसा स्वातंत्र्य चळवळीतले म्हान फुडारी डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियाव मिनेझिस हांणी सालाझार हुकूमशाय सत्तेआड नागरी आज्ञाभंग चळवळ सुरू केली. हे दोन मनीस क्राती सुरू करपा खातीर जापसालदार आशिल्लें. 18 जून 1946 दिसा तांणी मडगांवा गोंयांक पोर्तुगीजांच्या सत्तेतल्यान मुक्त करपाची ज्योत पेटयली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें.

आयच्या ह्या उगडासाच्या दिसा आमी सगळ्यांनी तमाम हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांक आदरान नमन करूया, जांच्या धाडसाक लागून गोंय भारताचो भाग जालो आनी आपलो फुडार निश्चीत केलो.

आयच्या ह्या विसरूंक शकना अशा दिसा आमी आमच्या भारत देशाक आनी गोंय राज्याक विकसीत भारत, विकसीत गोंय, 2027 मार्गार व्हरपाक स्वता समर्पित जावया, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/544

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.